# रेशन कार्डात दुरूस्ती करपाचो उलो

ता. 25 जुलय 2017

3 श्रावण 1939

सरकारी कर्मचाऱ्यांसयत अनेक अपात्र लावधारकांकडेन दारिद्र्य रेशेवयल्या (एपीएल) कार्डाबदला प्रायोरीट हाऊसहोल्ड अन्न सुरक्षा कार्डा आशिल्ल्याचे नागरी पूरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या नदरेक आयला. तशेंच काय कुटुंबाची येणावळ 5 लाखावयर आसून लेगीत तांचेकडेन एपीएल रेशनकार्डा आसात. तशेंच रेशन कार्डाचेर मेल्ल्या व्यक्तीची नांवा आसून त्या व्यक्तीच्या नावाचेर रेशन घेतात, त्याच बरोबर काय कुटुंबां गोंयात राबीतो करीनात, पूण तांच्या रेशनकार्डाचेर दुसरीच व्यक्ती रेशन कोटा घेता, अशेंय खात्याच्या नदरेक आयला.

ते खातीर खात्यान सगळ्यां रेशन कार्डधारकांक 60 दिसांभितर आपल्या रेशन कार्डात दुरूस्ती, बदल करप, मेल्ल्या व्यक्तीची नावां गाळप आनी रेशन कार्डा खात्याच्या तालूका निरीक्षकाच्या सुवादीन करपाचो उलो मारला, नाजाल्यार अपात्र कार्डधारकांचेर योग्य कारवाय जातली.